Panaji National 15th March 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल अस्तंत बंगालांतल्या कोलकातात सुमार 18 हजार 700 कोटी मोलाच्या जायत्या रस्ते, रेल्वे, आनी बंदर प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली.
केंद्र सरकारान देशात डिझेल आणि पेट्रोलचो पुरेसो साठा उपलब्ध आशिल्ल्याचे आश्वासन दिला.

९२ हजार मेट्रिक टन वयर एलपीजी घेऊन दोन भारतीय जहाजांनी हॉर्मुझ सामुद्रधुनी पार केली. ही जहाजां सोमार आनी मंगळारा गुजरातातल्या बंदरांचेर पावपाची अपेक्षा आसा.

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाणी हॉर्मुझ सामुद्रधुनी बंद केल्ल्यान प्रभावित झालेल्या देशांक या महत्त्वाच्या लवाहतूक मार्गाचे संरक्षण करपाखातीर जहाजा धाडपाची आवाहन केले.

'हॉर्मुझ सामुद्रधुनी' (Strait of Hormuz) आंतरराष्ट्रीय जलवाहतुकी खातीर उक्तो आसा मात, अमेरिका आणि इस्रायल कडेन संबंधित जहाजांक ह्या जलमार्गातल्यान वचपाक परवानगी दिवचे ना अशे इराणचे परराष्ट्र मंत्री अब्बास अराकची हाणी स्पष्ट केला.
एफआयएच बायलांच्या हॉकी वर्ल्ड क्वालिफायराच्या फायनलींत भारताक इंग्लंडा आड 0-2 अशी हार घेवची पडली तरी लेगीत भारतीय पंगड अंदूच्या मेगा इव्हेंटां खातीर पात्र थारला.

PM Kolkata –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल कोलकातात सुमार 18,700 कोटी मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. ह्या सगल्या प्रकल्पांक लागून फकत अस्तंत बंगाल राज्याचे न्हय तर पुराय उदेंत वाठाराचे उदरगतीक नवी गती मेळटली अशें प्रधानमंत्र्यान ह्या वेळार उलयतना सांगलें.

अस्तंत बंगालांतल्या रेल्वे मुळाव्या साधनसुविधांचोय नेटान विस्तार करपा खातीर केंद्र सरकार सातत्यान यत्न करता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी अधोरेखित केलें.

Inter – min –

भारतीय ध्वज आशिल्ले दोन जहाजां शिवालिक आनी नंदादेवी हाणी काल सकाळीं होर्मुज सामुद्रधुनीं सुरक्षीतपणान पार केली. बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्रालयांतले खाशेले सचीव राजेश कुमार सिन्हा हांणी काल सांजवेळा दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन मिडिया ब्रिफींगांत उलयतना हि माहिती दिली.ह्या जहाजांनी 92,700 मेट्रीक टन एलपीजी आशिल्याचे तांणी सांगले. सिन्हा हांणी दिल्ल्या म्हायती प्रमाण हीं जहाजां 16 आनी 17 मार्चाक मुंद्रा आनी कांडला बंदरांचेर पावपाचीं आसात.

खंयच्याय किरकोळ विक्री केंद्रांत वा एलपीजी वितरकां कडेन एलपीजीचो उणाव ना, आनी फावो त्या प्रमाणांत डिझेल आनी पेट्रोल उपलब्ध आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाचो जोड सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. देशांत कच्च्या तेलाचो फावो ते सांठे आसात अशें तिणें सांगलें.

Jaiswal –

सध्याच्या खरीफ हंगामाचे फाटभुंयेर भारतांत सध्या साऱ्यांचो फावो तो सांठो आसाआशे परराश्ट्र मंत्रालयाचे म्हण्यारे रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन मिडिया ब्रिफींग वेळार तांणी ही म्हायती दिली.

देशांतलो युरियाचो सांठो फाटल्या वर्साच्या याच कालावधी परस चड आसा, जाल्यार डायमोनियम फॉस्फेटाचो (DAP) सांठो फाटल्या वर्साच्या तुळेंत दुप्पट जाला अशें जयसवाल हांणी नमूद केले. तसेच नायट्रोजन, फॉस्फरस आणि पोटॅशियम (NPK) खतांची उपलब्धता फाटल्या वर्षीच्या याच कालावधीच्या तुळेंत लक्षणीयरीत्या चड आसा, असे तांणी सांगले.

US Iran –

पर्शियन आखातातल्या इराणच्या प्रमुख कच्च्या तेल निर्यात केंद्र आशिल्ल्या खार्ग जुंव्याचेर अमेरिकेन हल्ले केल्या उपरांत अस्तंत आशियांत तणाव वाडिल्ल्या कारणानं संयुक्त अरब अमिरातीत सुरक्षा अलर्ट वाडयल्या. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी अमेरिकेच्या सैन्यान जुंव्याचेर आशिल्ले जायते लश्करी तळ नश्ट केले पूण तेल निर्यात मुळाव्या साधनसुविधांचेर हल्लो करूंक ना अशें सांगलें. इराणी अधिकाऱ्यांनी अजून मेरेन लुकसाणाचें सविस्तर मुल्यांकन जाहीर करूंक ना. इराणाचे तेल निर्यात आनी व्यापक अर्थवेवस्थे खातीर हो जुंवो एक म्हत्वाचो केंद्र.

Trump –

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हाणी हॉर्मुझ सामुद्रधुनी बंद करपाच्या तेहरानच्या यत्नाक लागून प्रभावित झालेल्या देशांक या तेल पुरवणेक महत्त्वाच्या आशिल्ल्या ह्या अशीर जलवाहतूक मार्गाचे संरक्षण करपाखातीर जहाजा धाडपाची आवाहन केले. इराण बरोबरचे घेरर तिसऱ्या आठवड्यात पावला. truth सोशलाचेर केल्ल्या एका पोस्टत, ट्रम्प हाणी चीन, फ्रान्स, जपान, दक्षिण कोरिया, युके आणि हेर देशांक होर्मुझ सामुद्रधुनीत जहाजा धाडपाचें आवाहन केले. अमेरिका किनाऱ्याचेर बॉम्बिंग करत रावतलो आणि इराणी जहाजा आणि बोटींक लक्ष्य करतलो अशे म्हळां. 8 फेब्रुवारी सावन अमेरिका आनी इझ्राएलान इराणाचेर मोटो संयुक्त हल्लो केला आनी इराणाच्या प्रति उत्तराक लागून हो संघर्श पुराय आखाती वाठारांत पातळ्ळा.होर्मुझांतल्या इराणी हल्ल्यांक लागून सामुद्रधुनींतल्या सागरी येरादारीचेर परिणाम जाला, हो मार्ग कच्च्या तेलाच्या आनी तेलाच्या जागतीक पुरवण साखळीं खातीर म्हत्वाचो आसा.

Iran –

रणनीतीक दृष्ट्या सामको म्हत्वाचो 'हॉर्मुझची सामुद्रधुनी' आंतरराष्ट्रीय जलवाहतुकी खातीर उक्तो आसा मात, अमेरिका आणि इस्रायल कडेन संबंधित जहाजांक ह्या जलमार्गातल्यान वचपाक परवानगी दिवचे ना अशे इराणचे परराष्ट्र मंत्री अब्बास अराकची हाणी स्पष्ट केला. हालींच्या लष्करी घडामोडींच्या फाटभुयेर या प्रदेशात तणाव वाढत असतानाच, अराकची हाणी हे विधान केला.

एका अमेरिकन चैनललोक दिलल्या मुलाखतीत अराकची हाणी हे स्पष्ट केले की, हो सागरी मार्ग पूर्णपणे बंद करण्यात आलेला नाही.

Mah steel –

भारताच्या उद्देगीक उदरगती खातीर कोळसो सामको म्हत्वाचो आसा अशें केंद्रीय कोळसो मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी काल सांगलें. चंद्रपूर जिल्हयांतल्या भद्रावती हांगा ग्रीन स्टील प्रकल्प आनी कोळसा गॅसिफिकेशन उपक्रमांचें तांणी उक्तावण केले, त्या वेळार ते उलयताले. प्रादेशिक रोजगार वाडोवप आनी पर्यावरण अनुकूल उद्देगांक चालना दिवप हो ह्या प्रकल्पांचो हेत आसा.

ह्या वेळार उलयतना महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी हवामान बदलाक लागून जावपी आव्हानांक तोंड दितनाच ह्या प्रकल्पांक लागून राष्ट्रीय अर्थवेवस्था घटमूट जातली अशें म्हळें. राज्यांत सात कोळसो गॅसिफिकेशन प्रकल्पांची येवजण आसा, तातूंतले चार विदर्भा वाठारांत उभारतले अशें तांणी सांगले.

तसेच गडचिरोली, चंद्रपूर, नागपूर, भंडारा आणि गोंदिया जिल्हयांनि स्टील हब विकसित करतात, असे त्यांनी नमूद केले.

Pak –

अफगाणिस्तानच्या क्षेत्रांत पाकिस्तानान केल्ल्या हवाई हल्ल्याचो भारतान निशेध केला. ह्या हल्ल्यांक लागून जायत्या नागरीकांक मरण आयलें आनी नागरी मुळाव्या साधनांक लुकसाण जालें. परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत पाकिस्तानी व्यवस्थेकडल्यान जाल्लो हो आनीक एक हल्लो अशें म्हणलां.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान आज चंडीगढ, हरियाणा, उदेंत उत्तर प्रदेश, पंजाब आनी उत्तराखंडात गारपिट आनी नेटान वादळी वाऱ्याचो orange alert जारी केल्या. अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, ओडिशा, तेलंगणा, विदर्भा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशाचेरूय अशीच परिस्थिती आसतली असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

FIH –

हॉकींत काल सांजवेळा हैदराबादांत जी.एम.सी. बालयोगी हॉकी मैदानावर जाल्ल्या एफआयएच बायलांच्या हॉकी वर्ल्ड क्वालिफायराच्या फायनलींत भारताक इंग्लंडा आड 0-2 अशी हार घेवची पडली तरी लेगीत भारतीय पंगड अंदूच्या मेगा इव्हेंटां खातीर पात्र थारला, जी नेदर्लंड्स आनी बेल्जियम जोड रित्या आयोजित करतलो. संवसारांत णववे सुवातेर आशिल्ल्या भारतीय पंगडान पुराय 60 मिनटां प्रामाणीकपणान यत्न केले, पूण tanka इंग्लंडाची अभेद्य बचावफळी भेदपाक अपेस आयले. वस्ताद इंग्लंड, उपविजेता भारत आणि इटलीचो १-० असो पराभव करपी स्कॉटलंड ह्या पंगडानी या सर्तीतल्यान विश्वचषका खातीर पात्रता मेळयल्या. विश्वचषकाची ही आवृत्ती १४ ते ३० ऑगस्ट या काळांत, दादल्यांच्या स्पर्धे बरोबरच नेदरलँड्स आणि बेल्जियम संयुक्तपणे आयोजित करतली.

BCCI –

भारतीय क्रिकेट कंट्रोल बोर्ड (BCCI) आज नवी दिल्लींत प्रतिश्ठीत नमन अवॉर्ड्स 2026 आयोजीत करतले. ह्या सुवाळ्यांत, भारतीय क्रिकेटांखातीर दिल्ल्या असाधारण सेवेखातीर BCCI दिता तो सर्वोच्च सन्मान कर्नल C. K नायुडू लायफटायम अचीवमेंट ॲवॉर्ड- क्रिकेट दिग्गज रोजर बिनी आनी राहुल द्रविड हांकां bhetytle.ते भायर भारतीय महिला पंगडाची आदली कर्णधार मिताली राज हिका महिला क्रिकेटांतल्या ताच्या उल्लेखनीय योगदाना खातीर बीसीसीआय लायफटायम अचीवमेंट पुरस्कार दिवन सन्मानित करतले. तशेंच 2024-25 क्रिकेट हंगामांत उत्कृश्ट कामगिरी करपी खेळगड्यांक नमन पुरस्कार दितले.